राश्ट्रीय खबरो 30 ऑगस्ट 2026,

सांजेची 6.30 वरां

पीएम पुरस्कार 70

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांकां आयज ताशकंदांत राष्ट्राध्यक्ष शवकत मिर्जियोयेव हांणी उझबेकिस्तानाचो सर्वोच्च राज्य पुरस्कार ऑर्डर ऑफ ओलिय दरजाली दोस्तलिक भेटयलो.

भारत आनी उझबेकिस्तान हांचे मदली इश्टागत आनी घटमूट द्विपक्षीय बंधनाक प्रधानमंत्री मोदी हांणी हो भोवमान ओंपला.

नामनेचो सन्मान मेळिल्ले खातीर खूब अभिमान भोगता आनी दोनुय देशांमदली वाडत वचपी इश्टागत आनी परस्पर सहकार्य खातीर हो सन्मान आशिल्ल्याचें प्रधानमंत्री मोदीं हांणीं सोशल मीडियावेल्यान केल्ल्या एका पोस्टा वरवीं कृतज्ञताय व्यक्त करताना, नमूद केलें.

पीएम 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज ताशकंदच्या राष्ट्रपती भवनांत उझबेकिस्तानाचे राष्ट्राध्यक्ष शवकत मिर्झियोयेव हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी केली.

दोनुय फुडाऱ्यांमदीं वेपार , गुंतवणूक, संरक्षण, डिजिटल संपर्क , ऊर्जा, शिक्षण आनी जनसंवाद ह्या मळार सहकार्याचो नियाळ घेतलो, तशेंच कित्तेक समजुकायेच्या करारांचेर सयो करपाची शक्यता आसा.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी द्विपक्षीय संबंधांक सर्वसमावेशक रणनिती भागीदारीचो दर्जो दिवपाची घोषणा केली. ही घोषणा तांच्या रणनिती भागीदारीच्या पंदराव्या वर्धापन दिसा

निमतान आनी उझबेकिस्तानाच्या स्वातंत्र्य दिसाच्या पस्तिसाव्या वर्धापन दिसा निमतान केल्ल्यांचे तांणीं नमूद केलां. ह्या पयलीं प्रधानमंत्र्यांनी एका योग कार्यावळींत वांटो घेतलो.

मन की बात 120

विकसीत भारता खातीर नशा-मुक्त युवा' मोहीम व्हड प्रमाणांत तरणाट्यांच्या सहभागान नेटान गती मेळयता अशें मत आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळीतल्यान राष्ट्राक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उच्चारलें.

अंमली पदार्थाचें वेसन पुराय कुटुंबियांचेर आनी समाजाचेर परिणाम करता. तेन्ना संगीतकार, कंटेंट क्रियेटर्स आनी भौसान समाजीक जागृताय निर्माण करपा खातीर आपल्या भासांतल्यान आपली सर्जनशीलताय वापरची अशें आवाहन  प्रधानमंत्री मोदी हांणीं केलें.

नशामुक्ती विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी फुडें सांगलें.

व्होकल फोर लोकलाचेर भर दित प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें. –

तशेंच प्रधानमंत्री स्वनीधि येवजण बायलांच्या सशक्तीकरणाक चालना दिता, तातूंत सुमार शेचाळीस टक्के लावार्थी बायलांचो आस्पाव आसा आनी सुमार 35 लाख बायलां हे येवजणे वरवीं आपलो वेवसाय वाडयतात अशेंय प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

स्वनीधि येवजणे विशीं अदीक म्हायती दितनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हळें.

नितळसाणी विशीं उलयतनां प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

नेपाळ 85

मध्य नेपाळांत आयिल्ल्या भयानक हुंवाराक लागून मरण आयिल्ल्यांचो आंकडो बचाव कार्याच्या पांचव्या दिसा सांतशें चौतिसांचेर पावला. बाधित आठ जिल्ह्यांनीं सोद आनी बचाव पथकांचे काम सुरू आसा.

नेपाळाच्या राष्ट्रीय आपत्ती जोखीम न्युनीकरण आनी वेवस्थापन प्राधिकरणाच्या म्हणण्या प्रमाण पंच्यायशीं सुरक्षा कर्मचारी आनी 320 विदेशी नागरिकां सयत 2 हजार पाचशीं सुमार लोक बेपत्ता आसात.

चितवन जिल्ह्यांत सगळयांत चड दोनशें एकोणसाठ जाणांक मरण आयलां, नवलापरासी पुर्वेसावन एकशें चौऱ्यांयशीं, नवलापरासी अस्तंस्ते सावन ब्यांयशीं, आनी गोरखा जिल्ह्यांत अठ्ठावन्न जाणांक मरण आयलां. तशेंच नुवाकोट, धाडींग, तनहू, आनी रसुवा वाठांरांत मरण आयिल्ल्याची नोंद जाल्या.

पावस 80

ओडिशांत आयज उटंगरांचो पावस पडपाची शिटकावणी दीत भारतीय हवामान विभागान रेड अलर्ट जारी केला.

तशेंच आसाम, मेघालय, अरुणाचल प्रदेश, छत्तीसगड, गॅंगेटिक अस्तंत बंगाल ह्या वाठारांनी व्हडा प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. ते भायर बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश, उत्तराखंड, उदेंत उत्तर प्रदेश, सिक्किम, उप हिमालयीन अस्तंत बंगाल, विदर्भ, आनी ईशान्येच्या राज्यांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास आसा.

जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर गडगड, जोगलां आनी वादळी वाऱ्या सयत पावस पडपाची शिटकावणी हवामान विभागान दिल्या.

खेळ 35

आदलो जैतिवंत पंगड जर्मनी आयज सांजवेळा बेल्जियमांतल्या वाव्हरे हांगाच्या बेल्फियस हॉकी ॲरेनाचेर दादल्यांच्या एफ.आय.एच हॉकी वर्ल्ड कप 2026 फायनलींत स्पेना आड खेळटली. हो खेळ भारतीय  वेळा प्रमाण सांजवेळा 8 वरांचेर सुरू जावपाचो आसा.